**वेवसायिक प्रशिक्षण अभ्यासक्रम परीक्षांचो निकाल जाहीर**

ता. 29 ऑगस्ट 2023

राज्य वेवसायिक प्रशिक्षण परीक्षा मंडळान जुलय म्हयन्यात घेतिल्ल्या अखिल गोंय वेवसायिक प्रशिक्षण अभ्यासक्रम परीक्षांचो निकाल जाहीर केला. अभियांत्रीकी आनी बिनअभियांत्रिकी शाखेतल्या नियमित प्रशिक्षणार्थी बॅच 2022-2024 एक वर्स (ट्रेड-सीटीएस), बॅच 2022-2023 एक वर्स (DST ट्रेड्स), बॅच 2022-2023 दोन वर्सां आनी बॅच 2021-2023 आनी परत परीक्षा दिल्ल्या उमेदवारांचो निकाल जाहीर केला, अशें कुशळटाय विकास आनी उद्देजकताय संचालनालयान कळीत केला.

राष्ट्रीय वेवसायिक प्रशिक्षण मंडळाच्या नेमाप्रमाण OMR शीट्स संगणकावरवीं स्कॅन करपात येता आशिल्ल्यान चुको जावपाक वाव नासता, त्या खातीर OMR शीट्सचे पुनर्मूल्यांकन करपाक परवानगी ना, अशेंय संचालनालयान कळीत केला.

म्हा /सप/ प्रना/ विगां/ 2023/672

--

-------------------------------------------------------------------------------------------

Issued by the Department of Information & Publicity

Department of Information & Publicity,

Government of Goa,

Udyog Bhavan, Third Floor,
Near Azad Maidan,

Panaji – Goa.